०६-०६-२०२५

सकाळी - ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज जम्मू आनी काश्मीरात खूपश्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण आनी बुनियादी फातर बसयतले.
- प्रधानमंत्री मोदी कटरा आनी श्रीनगरमजगती दोन वंदे भारत एक्सप्रेस गाड्यांक पाचवो बाबटो दाखयतले.
- चिन्नास्वामी स्टेडियमाच्या भायर जाल्ल्या चेंगराचेंगरीत 11 जाणांक मरण आयिल्ल्या प्रकरणांत कर्नाटकाचे मुखेलमंत्र्यानी बेंगळुरूचे पुलीस आयुक्त आनी हेर जायत्या वरिश्ठ पुलीस अधिकाऱ्यांक केल निलंबीत.
- भारतीय रिझर्व्ह बँक आयज द्विमासिक चलन धोरणाच्या नियाळा उपरांत धोरण व्याजदर जाहीर करतली.
- नॉर्वे बुद्धिबळ सर्तीत भारताच्या डी. गुकेशान क्लासिकल सर्तीच्या नवव्या फेरीयेत चीनच्या वेई यी क हारयले.

प्रधानमंत्री - १५०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज जम्मू आनी काश्मीरात खूपश्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण आनी बुनियादी फातर बसयतले. ह्या प्रकल्पांखातीर ४६ हजार कोटी रुपयांपरस चड खर्च येतलो. ह्या अंतर्गत, मोदी उधमपूर-श्रीनगर-बारामुल्ला रेल्वे लिंक प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित करतले. ह्या २७२ किमी लांबायेच्या रेल्वे लिंकखातीर सुमार ४४ हजार कोटी रुपये इतलो खर्च आयला. ह्या पुराय विद्युतीकरण प्रकल्पांत 36 बोगदे आनी 943 पूल आसात. प्रधानमंत्री आयज संवसारातल्या सगळ्यात उंच रेल्वे पूल, चिनाब पूल आनी भारतातलो पयलो केबल रेल्वे पूल - अंजी खाडचेय उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री मोदी दोन वंदे

भारत एक्सप्रेस गाड्यांक लेगित पाचवो बाबटो दाखयतले. श्री माता वैष्णोदेवी, कटरा ते श्रीनगर आनी दुसरी श्रीनगर ते कटरा ह्या गाड्यांचो तातूंत आस्पाव आसा. कटरा आनी श्रीनगर मजगती वंदे भारत गाड्यांची नियमित सेवा फाल्यासावन सुरू जातली.

तशेच,  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वेगवेळ्या रस्ते प्रकल्पांचेय उक्तावण आनी बुनियाद आयज घालतले. ते कटरात ३५० कोटी रुपया मोलाच्या श्री माता वैष्णोदेवी इन्स्टिट्यूट ऑफ मेडिकल एक्सलन्सचोय बुनियादी फातर बसयतले. हे रियासी जिल्ह्यातले पयले वैजकी महाविद्यालय आसतले.

जयशंकर - ३२०

विदेश वेव्हार मंत्री एस. जयशंकर हांणी काल नवी दिल्लीत कझाकिस्तान, किर्गिस्तान, ताजिकिस्तान आनी तुर्कमेनिस्तानच्या विदेश वेव्हार मंत्र्यांची भेट घेतली. कझाकिस्तानचे उपप्रधानमंत्रीए आनी विदेश वेव्हार  मंत्री मुरात नूर्तलेऊ हांच्याकडेन जाल्ल्या भेटीवेळार, डॉ. जयशंकर हांणी दोनूंय देशांमदले संबंध घटमूट करपाखातीर सहकार्य कार्यावळींचेर सय केली. राजकी, व्यापार, गुंतवणूक आनी ऊर्जा सहकार्यासयत धोरणात्मक भागीदारीच्या वेगवेगळ्या मुद्द्यांचेर हेवेळार हे फुडा-यांमदी चर्चा जाली. डॉ. जयशंकर हांणी प्रादेशिक संपर्क वाडोवपाचेरुंय हेवेळार चर्चा केली. आतंकदाआडच्या शून्य सहनशीलतेच्या कझाकिस्तानच्या धोरणाची हेवेळार जयशंकर हांणी तोखणाय केली.

ताजिकिस्तानचे विदेश वेव्हार मंत्री सिराजुद्दीन मोहिरुद्दीन हांचेकडेन जाल्या बसकेत डॉ. जयशंकर हांणी दोनूंय देशांमदलो व्यापार, गुंतवणूक आनी संपर्क वाडोवप तशेच आतंकवादाक फूडो करपाखातीर उपाययेवजण्यांचेर चर्चा केली.

किर्गिस्तानचे विदेश वेव्हार  मंत्री जिनबेक कुलबाएव हांचेकडेन जाल्ल्या बसकेत बँकिंग, शिक्षण, ऊर्जा, भलायकी, संपर्क आनी क्षमता बांधणीत सहकार्याचेर चर्चा जाली. दोनूंय देशांनी द्विपक्षीय संबंध घटमूट करपाखातीर सहकार्य कार्यावळींचेर सय केली. आतंकवादाआड झूंजपाच्या यत्नांत दाखयल्ल्या एकठायपणाविशी जयशंकर हांणी  कुलबाएव हांचे उपर मानले.

तुर्कमेनिस्तानचे विदेश वेव्हार मंत्री राशीद मेरेदोव हांचेबरोबर जाल्ल्या बसकेत व्यापार, गुंतवणूक, भलायकी आनी ऊर्जा ह्या क्षेत्रातल्या सहकार्याचेर चर्चा जाली. सगळ्या प्रकारच्या आतंकवादाचो निषेध केल्याविशी डॉ. जयशंकर हांणी तुर्कमेनिस्तानचे उपकार मानले.

शिश्टमंडळ - १६०

काँग्रेसचे खासदार डॉ. शशी थरूर हांच्या फुडारपणाखाला सगळ्या पक्षांच्या शिष्टमंडळाने काल राती वॉशिंग्टनात अमेरिकेचे उपराश्ट्राध्यक्ष जे.डी. वेन्स हांची भेट घेतली. आतंकवादाआडच्या झूंजापासून ते तांत्रिक सहकार्य वाडोवपाच्या म्हत्त्वाच्या मुद्द्यांचेर हेवेळार सविस्तरपणान चर्चा जाली. दोन्नूय देशांमदी धोरणात्मक भागीदारी घटमूट करपाच्या नदरेन ही चर्चा रचनात्मक आशिल्ली अशें डॉ. थरूर हांणी सोशल मीडिया पोस्टमध्ये हेवेळार म्हळे. ह्या शिष्टमंडळान अमेरिकेतल्या भारतीय समुदायाच्या वांगड्यांचीय भेट घेतली आनी आतंकवादाक एकठायपणान फूडो करपाचो भारताचो संकल्प परतून एकदा स्पश्ट केलो. ऑपरेशन सिंदूरातल्यान स्पष्ट जाल्ल्या देशाच्या नव्या भूमिकेचोय तातूंत उल्लेख आशिल्लो. भारतीय समुदायांनी आतंकवादी हल्ल्यात मरण आयिल्ल्यांविशी खर दुख उक्तायले. डॉ. थरूर यांनी भारतातील अमेरिकेचे राजदूत केन जस्टर हांचेकडेन लेगित आतंकवादासंबंदी चर्चा केली.

भाजपाचे खासदार रविशंकर प्रसाद हांच्या फुडारपणाखालच्या सगळ्या पक्षांच्या शिष्टमंडळान ब्रुसेल्सातल्या बेल्जियम चेंबर ऑफ रिप्रेझेंटेटिव्हजचे वांगडी पीटर डी. रोव्हर हांची भेट घेतली. खबराकारांकडेन उलयतना रविशंकर प्रसाद हांणी पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या आड एकचार उक्तायिल्ल्या खातीर रोव्हर हांचे उपकार मानले. आतंकवादाआड भारताच्या एकचाराचो संदेश दिवपाखातीर संवसारीक भोवंडेर गेल्ल्या सात सगळ्या पक्षांच्या शिष्टमंडळांपेकी पाच शिष्टमंडळ परतून भारतात आयले.

‘ऑपरेशन शिवा’ - १२०

३ जुलैसावन सुरू जावपी ३८ दिसांच्या अमरनाथ यात्रेवेळार यात्रेकरूंच्या सुरक्षेखातीर जम्मू आनी काश्मीरातल्या सुरक्षा दळांनी ‘ऑपरेशन शिवा’ सुरू केला. हालीच पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याच्या फाट्भूंयेर, लष्करान केंद्रीय सशस्त्र दळांच्या सहकार्यान ही कारवाय सुरू केल्या. हेखाला पहलगाम आनी बालटल यात्रा मार्गाचेर ४२ हजार सुरक्षा रक्षक तैनात करतले. उचेल्यापावंड्यावेली सुरक्षा सुनिश्चित करपाखातीर ड्रोन, सीसीटीव्ही कॅमेरे आनी बुलेटप्रूफ वाहनांसयत उचेल्यापावंड्यावेल्या सुरक्षा तंत्रगिज्ञानाचो वापर हेवेळार करतले. कसल्याय संशयित धोक्याक आडावपाखातीर यात्रा मार्गांचेर कडक तपासणी करतले. ऑपरेशन शिवा अंतर्गत, यात्रेकरूंक बरी वैजकीसेवा, येरादारी आनी राबीतो सुविधा मेळतली. घरमंत्री अमित शहा हांणी फाट्ल्या महिन्यात २९ तारखेक जम्मूत जाल्ल्या उचेल्या पावंड्यावेल्या नियाळ बसकेत सुरक्षित प्रवास सुनिश्चित करपाखातीर सरकारच्या वचनबद्धता परतून स्पश्ट केल्ली. श्री अमरनाथ श्राइन बोर्डान सुरक्षा आनी पळोवणी वाडोवपाखातीर रेडिओ फ्रिक्वेन्सी वळखपत्रा लेगित जारी केल्यात.

शिवराज सिंह चौहाण - ३०

केंद्रीय कृषी मंत्री शिवराज सिंह चौहाण आयज उत्तराखंडच्या दौऱ्यार वतले. ते देहरादून जिल्ह्यातल्याल पाव वाला सौदा गावात आयोजित किसान चौपालात वाटेकार जातले. हेवेळार ते शेतकऱ्यांकडेन लेगित संवाद सादतले.

भारत-मध्य आशिया संवादाची चौथी बसका - ९०

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस.जयशंकर हांच्या येजमानकेखाला आयज नवी दिल्लीत भारत-मध्य आशिया संवादाची चौथी बसका जातली. कझाकिस्तान, किर्गिस्तान, ताजिकिस्तान, तुर्कमेनिस्तान आनी उझबेकिस्तानचे विदेश वेव्हारमंत्री ह्या बसकेत वाटेकार जातले. भारत आनी मध्य आशियाई देशांमदले संबंध घटमूट करपाचेर, खासा व्यापार, जोडणी, तंत्रगिज्ञान आनी विकास सहकार्य वाडोवपाचेर चर्चा जातली. प्रादेशिक सुरक्षा आनी परस्पर हिताच्या हेर प्रादेशिक

आनी जागतिक मुद्द्यांचेर लेगित चर्चा जातले. भारत-मध्य आशिया संवादाची तिसरी बसका डिसेंबर २०२१त नवी दिल्लीत जाल्ली.

भारत आने मध्य आशियाई देशांमदी पोरने घटमूट संबंध आसात. पयली भारत-मध्य आशिया शिखर परिषद जानेवारी २०२२त आभासी पद्धतीन आयोजित केल्ली.

आर बी आय - ९०

भारतीय रिझर्व्ह बँक आयज द्विमासिक चलन धोरणाच्या नियाळा उपरांत धोरण व्याजदर जाहीर करतली. रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांच्या फुडारपणा खाला चलन धोरण समितीन बिरेस्तारा तीन दिसांची बसका सुरू करून रेपो दरात कपात करपाचो निर्णय घेतले. तज्ञांच्या म्हणण्या प्रमाण रिझर्व्ह बँक तिसरे खेपे रेपो दर 25 बेसिस पॉयंटांनी कापून 5.75 टक्क्यांनी करपाक शकता. भारतीय स्टेट बँकेच्या अहवाला प्रमाण रेपो दरांत पन्नास बेसिस पॉयंटांची व्हडली कपात जावपाची शक्यताय आसा. फाटल्या दोन चलन धोरणाच्या नियाळांत रिझर्व्ह बँकेन रेपो दर 50 बेसिस पॉयंटांनी उणो करून 6 टक्क्यांनी केल्लो.

चेंगराचेंगरी - ८०

चिन्नास्वामी स्टेडियमाच्या भायर जाल्ल्या चेंगराचेंगरीत 11 जाणांक मरण आयिल्ल्या प्रकरणांत कर्नाटकाचे मुख्यमंत्री सिद्दारामैयान बेंगळुरूचे पुलीस आयुक्त बी.दयानंद आनी हेर जायत्या वरिश्ठ पुलीस अधिकाऱ्यांक निलंबीत केल्यात. तशेंच रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पंगड, आयोजक कंपनी डीएनए एंटरटेनमेंट आनी कर्नाटक राज्य क्रिकेट असोसिएशनाच्या प्रतिनिधींक अटक करपाचो आदेश मुख्यमंत्र्यानी दिला. तांचे आड वेगवेगळ्या आरोपांत एफआयआर दाखल केला. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत पत्रकारां कडेन उलयतना मुख्यमंत्र्यानी कर्नाटक उच्च न्यायालयाचे निवृत्त न्यायाधीश न्यायमूर्ती मायकल डी. कुन्हंकडेन

न्यायालयीन चौकशीची घोषणाही केली. चौकशी आयोग तीस दिसांत आपलो अहवाल सादर करतले.

## बुद्धिबळ - ६०

भारताचो डी. गुकेश बुद्धिबळांत सेगित नवो इतिहास घडयता. नॉर्वे बुद्धिबळ सर्तीत तांणे चौथे जैत मेळयले. गुकेशने क्लासिकल सर्तीच्या नवव्या फेरीयेत चीनच्या वेई यी क हारयले आनी एकूण १४.५ गुण मिळयले. यासयत, सर्तीत तो आता नॉर्वेच्या मॅग्नस कार्लसन परस फकत अर्ध्या गुणानी फाटी आसा. आता सर्तीत फक्त एकूच फेरी आसा. ह्या निमण्या फेरीयेत जैत मिळयलो तर तो ताचे पयले नॉर्वे बुद्धिबळ वस्तादपण मेळयतलो.

## हवामान - ६०

हवामान खात्यान आयज आसाम आनी मेघालयांतल्या जायत्या सुवातींनी वादळी पावसाचो अदमास उक्तायला. फुडल्या सात दिसांत ईशान्य वाठार, केरळ, माहे, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, अस्तंत बंगालच्या वाठारांत आनी सिक्किमांत हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. हाचे भायर फाल्यां मेरेन दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, रायलसीमा आनी कर्नाटक, मध्य प्रदेश, विदर्भ आनी छत्तीसगडात गडगड आनी खर वारें मारपाचीय शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायलां.